**Panaji national news**

**21 feb 2025 6.30pm**

**प्रधानमंत्री**

भारत संवसारीक शक्ती केंद्र म्हणून उदेता म्हणून देशाक दरेका क्षेत्रांत उर्बेभरीत फुडारी जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिला. अशे संवसारीक पांवड्यावेले फुडारी देशाक जाय, जे ट्रेंड थारावंक शकतात आनी संवसारीक गुंतागुंतांचेर उपाय सोदून काडूंक शकतात अशें तांणी सांगलें.नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत आयज स्कूल ऑफ अल्टीमेट लीडरशिप (SOUL) कॉन्क्लेवाचे पयले आवृत्तीचें उक्तावण प्रधानमंत्री हांणी केलें. संवसारीक उत्तम पद्दतीं कडेन जोडून संवसारीक दर्जाची शासन आनी धोरण तयार करपाची पर्यावरण यंत्रणा तयार करपा खातीर पावलां उबारचीं पडटलीं अशें संबोधीत करतना प्रधानमंत्री हांणी भर दिलो.संवसारीक पांवड्यावेलें फुडारपण तयार करपाक SOUL चें म्हत्व उक्तायतना श्री मोदी हांणी सांगलें, राष्ट्राच्या उदरगतींत मनीस संसाधनांची मुखेल भुमिका आसता. तांणी म्हणलें, विक्षित भारताची दृश्टी साध्य करपा खातीर दरेक भारतीय खूब कश्ट घेता आनी देशाक नवनिर्माण आनी कुशळटाय चालीक लावंक शकता अशीं साधनां जाय. राष्ट्रीय आनी संवसारीक पांवड्यार उत्कृश्ट कामगिरी करपाक शकतले अशा फुडाऱ्यांक SOUL आकार दितले असो विस्वास प्रधानमंत्र्यान उक्तायलो. स्कूल ऑफ अल्टीमेट लीडरशिप स्थापन करप हें विक्षित

भारताच्या प्रवासाक म्हत्वाचें पावल अशें तांणी सांगलें.दोन दिसांचो SOUL लीडरशिप कॉन्क्लेव एक प्रिमियर प्लॅटफॉर्म म्हूण काम करतलो

जंय राजकारण, खेळ, कला आनी माध्यमां, आध्यात्मिक जग, भौशीक धोरण, वेवसाय, आनी समाजीक क्षेत्र ह्या सारक्या विंगड विंगड क्षेत्रांतले फुडारी आपले प्रेरणादायक जिवीत प्रवास वांटून घेतले. स्कूल ऑफ अल्टीमेट लीडरशिप ही गुजरातांतली एक येवपी फुडारपणाची संस्था जी प्रामाणीक फुडाऱ्यांक भौशीक बऱ्याक मुखार व्हरपाक मेळची म्हणून तयार केल्ली आसा. भारतांतल्या राजकी फुडारपणाची परिस्थिती औपचारीक प्रशिक्षणांतल्यान रूंद करप आनी फकत राजकी वंशांतल्यान न्हय तर योग्यतायेन, वचनबद्धतेन आनी लोकसेवेची आवड हांचेवरवीं वयर सरपी लोकांचो आस्पाव करपाचो हेतू आसा. आयच्या संवसारांतल्या फुडारपणाच्या गुंतागुंतीच्या आव्हानांक मार्गदर्शन करपाक गरजेची अंतर्दृष्टी, कुशळटाय आनी तज्ञताय SOUL हाडटा.

**केंद्रीय गृहमंत्री**

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह फाल्यां महाराष्ट्रांतल्या पुणें हांगा अस्तंत विभागीय मंडळाचे 27वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. अस्तंत विभागीय परिशदेंत गुजरात, गोंय, आनी महाराष्ट्र राज्यां, दादरा आनी

नगर हवेली आनी दमन आनी दीव हे संघ प्रदेश हांचो आस्पाव जाता.प्रादेशिक पांवड्यार मुळावी बांदावळ, खणकाम, पर्यावरण आनी रानां, अन्न सुरक्षा मापदंड, आनी हेर सादारण हिताच्या विशयांचेर

विभागणी मंडळांत चर्चा जातली.देशाच्या सर्वांगीण उदरगती खातीर सहकारी आनी स्पर्धात्मक संघराज्याचो फायदो घेवपाची गरज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायल्या. दोन वा चड राज्यांक वा केंद्र आनी राज्यांक परिणाम करपी प्रस्नांचेर नेमान संवाद आनी चर्चा करपा खातीर पद्दतशीर यंत्रणे वरवीं सहकार्य वाडोवपाक विभागीय मंडळां एक मंच दितात. राज्यांक सशक्त करपा खातीर आनी केंद्र आनी राज्यां मदीं बरी समजूत वाडोवपा खातीर सहकारी संघराज्य पद्दतीचेरूय श्री.शाहान भर दिला.

## कृशी विज्ञान

फाल्यां नवी दिल्लींत पूसा कृशी विज्ञान मेला 2025 आयोजीत जातलो. केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान मेलाचें उक्तावण करतले. तीन दिसांच्या जात्रेचो विशय उन्नत कृशी - विक्षित भारत. भारतीय शेतकी संशोधन संस्थेन विकसीत केल्ल्या नव्या जातींच्या आनी तंत्रगिन्यानाचें लायव्ह प्रदर्शन म्हळ्यार कृषी विज्ञान

मेलाचे मुखेल आकर्शण. हाचे भायर भारतीय शेतकी संशोधन संस्था, कृशी विज्ञान केंद्रां, शेतकार उत्पादक संघटना, उद्देजक आनी स्टार्टअप

हांचे आशादायक तंत्रगिन्यान, उत्पादनां आनी सेवांचेर प्रदर्शनां घडोवन हाडटले.

**जयसवाल**

भारत देशांतल्या सगळ्या आंतरराष्ट्रीय विद्यार्थ्यांक, सुरक्षीतताय, सुरक्षा आनी बरेपणाक व्हड प्राधान्य दिता अशें परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत पत्रकारांक म्हायती दितना श्री जयसवाल हांणी सांगलें, नेपाळी चलयेच्या मरणाचो प्रस्न उजवाडाक आयले उपरांत मंत्रालय ओडिशा सरकार आनी केआयआयटी अधिकाऱ्यां कडेन सतत संपर्कांत आसा. तांणी सांगलें, मंत्रालय नेपाळी प्राधिकरणाच्या लागींच्या संपर्कांत आसा. श्री जयसवाल हांणी सांगलें, ओडिशा पुलिसांनी आरोपीं सयत जायत्या जाणांक अटक केल्या आनी तांचे आड केशी दाखल केल्यात.

**सैन्या बसका**

भारतीय आनी पाकिस्तानी सैन्यान आयज जम्मू-काश्मीरांतल्या पुंछ जिल्ह्यांत सेनापती पातळेचेर ध्वज बसका घेतली. आकाशवाणी जम्मू संवाददारान कळयलां की ही बसका पुंछ जिल्ह्यांतल्या चकन दा बाग हांगा नियंत्रण रेशेच्या क्रॉसिंग पॉयंटाचेर जाल्ली, जातूंत दोनूय वटांनी वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी वांटो घेतिल्लो. राजौरी, पुंछ, आनी जम्मू

जिल्ह्यांतल्या एलओसीचेर हालींच्या काळांत फायरिंग, स्नाइपिंग, आयईडी स्फोटाच्या घडणुकांक जाप दितना ही बसका जाली. दोनूय वटांनी लश्करी वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी तणाव उणो करपाचे मार्गांचेर

भासाभास केली. ही बसका एक वरापरस चड काळ चलली आनी पाकिस्तान सैन्यान परत परत केल्ल्या झुजबंदी उल्लंघनाचेर उपाय काडपाचो हेतू आशिल्लो. पाकिस्तान लश्करान परत परत एलओसीचेर केल्ल्या युद्धविराम उल्लंघनाचो भारतीय वटेन खर निशेध केलो.